**मुख्यमंत्र्याकडल्यान बालदिसाची परबीं**

ता. 13 नोव्हेंबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी बाल दिसानिमतान गोंयच्या भुरग्यांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, आदले प्रधानमंत्री जवाहरलाल नेहरू हांच्या जयंती दिसा बाल दीस मनोवपात येता. भुरग्यांप्रती मोग आनी आपलेपण दाखोवपा खातीर ह्या दिसाक व्हड म्हत्व आसा. आयची भुरगीं ही आमच्या देशाचो फुडार जावन आसा. ज्या तरेन आमी तांचे पालन पोशण करतात तशें ती आमचे राज्य आनी देशाचो फुडार घडोवपाक शकतलीं.

बाल दीस मनोवपा फाटलो व्हड उद्देश आसा. आमकां आमच्या भुरग्यांची काळजी घेवपाविशीं तशेंच तांका योग्य संस्कार आनी शिक्षण दिवपाविशींच्या कर्तव्याची जाणीव करून दिता.

हांव परत एकदा सगळ्या भुरग्यांक बाल दिसाची परबीं दिता, अशें मुख्यमंत्री संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/947

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,